Panaji Regional

27th August 2025 7.20pm

गोयचो मुखेल सण चवथ आज राज्यभरात व्हड उर्बे उमेदीन मनयतात.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज हाल्लीच मंत्री पदाची सोपूत घेतील्ले मंत्री रमेश तवडकार आनी दीगंबर कामत हांका खाते वाटप केला.

सुनावणी सोंपतकच उच्च न्यायालयांनी निर्णय दिवपाक बरोच वेळ कळाव केल्ल्यान सर्वोच्च न्यायालयान खर हुस्को उक्तायला.

भारताचो आदलो फिरकी गोलंदाज रविचंद्रन अश्विनान इंडियन प्रिमियर लीगांतल्यान निवृत्तीची घोशणा केल्या.

Subhash – 150

गोयचो मुखेल सण चवथ आज राज्यभरात व्हड उर्बे उमेदीन मनयतात. आयज चवथी निमतान घरांघरांनी विघ्नहर्त्या गणरायाचें आगमन जाले. व्हडा भक्तीभावान आनी धर्मिक श्रद्धेन समेस्त गोंयकार ही परब मनयतात. गपपती पूजेक लायतकच घुमट आरती आनी उपरांत महाप्रसाद अशी रीत सगळ्याच घरांनी वर्सांसंखीनी चलत आयल्या. कामानिमतान घराभायर आशिल्ले गोंयकार चवथी निमतान गांवघरा येतात. चडश्या घरांनी देड दीस गणपती दवरतात. देड दिसाचो गणपती फाल्यां पायतले.

कांय घरांनी पाच दिस गणपती पूजतात जाल्यार कांय घरांनी सात णव वा इकरा दीस लेगीत गणपती पूजतात. राज्यांतल्या चडशे भौशिक गणपतीचे विसर्जन मात इकराव्या दिसा करतात. चवथ हो गोयांतलो मुखेल उत्सव. कामा निमतान घरा भायर आशिल्ले गोंयकार ह्या निमतान गांवघरा येतात.

घुमट आरती भजन अश्या कार्यावळीं सयत काय घरांनी फामाद गायक कलाकारांच्यो सांगितीक कार्यावळी लेगीत आयोजित करतात. मजगती परां सावन गोयातल्या चडश्या भौशिक गणेशोत्सव मंडळानी सांस्कृतिक कार्यावळी आयोजित जावंक लागतल्यो. भजन , कीर्तन , मराठी आनी कोंकणी नाटकां तशेंच संगीत आनी नृत्य कार्यावळींचो तांतूत आसपाव आसा.

Prasad – 45

फोंडा तालुक्यांत गणेश मुर्तीचे पारंपारीक पद्‌दतीन वाजयत गाजयत जल्लोषात आगमन जाले. भौशीक आनी घरगुती गणारायाचें आगमन आयज भक्तीमय वातावरणांत जालें. अंदू पर्यावरणाक अनुकूल पद्‌दतीन गणेशोत्सव उत्सव मनवपाची प्रवृत्ती नागरिकां मदी दिसपाक लागल्या. आयच्या गणेश चतुर्थी सावन अनंत चतुर्दशी मेरेन फोंडा शारांत आनी पुराय गोयंत गणेशोत्सवाची उमेद दिसतली.

Panaji Sarvajanik Ganesh

राजधानी पणजी शारांत पणजीकर सार्वजनिक गणेशोत्सव मंडळ आणि पणजी पुलीस स्थानकात गणेशोत्सवाक उत्साहत सुरुवात जाली. सकाळी पुरोहिताच्या हस्तुकी मूर्तीची विधिवत पूजा जाली. गणेशोत्सवा निमतान भरगच्च कार्यक्रमाचे आयोजन केला. आज पावसान हजेरी लायिल्ल्यान गणेश भक्तांच्या उत्साहाचेर विरजण पडली तरी  गणेश भक्तांनी मोठ्या उत्साहान गणपती बाप्पाचे स्वागत केले.

Rashmi/Ganesh – 75

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज हाल्लीच मंत्री पदाची सोपूत घेतील्ले मंत्री रमेश तवडकार आनी दीगंबर कामत हांका खाते वाटप केला. मंत्री दिगंबर कामत हांकां भोशीक बांधकाम, बंदर कप्तान खाते,तशेंच वजन माप ह्या खात्यांचो कार्यभार दिला जाल्यार, मंत्री रमेश तवडकार हांका  खेळ आनी युवा वेव्हार, आदिवासी  कल्याण आनी कला आनी संस्कृती ह्या खात्यांचो कार्यभार दिला.

हे शिवाय मंत्री सुभाष फळदेसाय हांका नव्यानुच स्थापन केल्ल्या पिवपाचें उदक खातें,आयज दीला. हे शिवाय मंत्री सुदिन ढवळीकार हांका संग्रहालय आनी गॅझेटीअर खाते दीला.

CBIC-GST - 70

केंद्रीय अप्रत्यक्ष कर आणि सीमाशुल्क मंडळान CBICन  लोकांक माल आनी सेवा कराच्या दरां विशीं कसलोच अंदाज लावचो न्हय अशे आवाहन केला. सोशल मीडिया पोस्टत मंडळान म्हळां की या दरांबाबत निर्णय केंद्र आणि राज्यांचे

प्रतिनिधी आशिल्ली जीएसटी परिषद घेता. मंडळान म्हळां की आगाऊ अंदाज लायिल्ल्यान अफवा पसरतात आणि हाका लागून शेअर बाजारात अस्थिरता निर्माण जावपाक शकता. तशेंच अंदू 3 आनी 4 सप्टेंबराक जावपी जीएसटी काउन्सिल बसके उपरांत जावपी अधिकृत घोशणांची वाट पळोवपाचो सल्लो सीबीआयसीन सगळ्या भागधारकांक दिला.

India Post – 60

संचारण राज्यमंत्री डॉ.चंद्रशेखर पेम्मासानी हांणी काल नवी दिल्लींत इंडिया पोस्ट आनी इंडिया पोस्ट पेमेंट्स बँकेच्या कामकाजाचो नियाळ घेतलो. डिजिटल उपक्रम, गिरायक सोयी आनी देशभर टपाल सेवा चड सुलभ करपा विशीं बसकेंत चर्चा जाली. हे बसकेंत पेम्मासानी हांणी इंडिया पोस्ट आनी इंडिया पोस्ट पेमेंट्स बँके मदीं लागींच्यान समन्वय साधपाच्या गरजेचेर भर दिला, जाका लागून पयसुल्ल्या वाठारांनी रावपी लोकांक परवडपी आनी विश्वासार्ह सेवा मेळतली.

SC:HC JUDGEMENT DELAYS - 110

सुनावणी सोंपतकच उच्च न्यायालयांनी निर्णय दिवपाक बरोच वेळ कळाव केल्ल्यान सर्वोच्च न्यायालयान खर हुस्को उक्तायला. अशा परिस्थितीक लागून न्यायालयीन प्रक्रिये वेलो याचिकाकर्त्यांचो विश्वास तुटता अशे न्यायालयाचे म्हणणे आसा. न्यायमूर्ती संजय करोल आणि न्यायमूर्ती प्रशांत कुमार मिश्रा हांच्या खंडपीठान म्हळा की, जर राखीव दवरल्या उपरांत तीन महिन्यां भितर निकाल दिलो ना, तर रजिस्ट्रार जनरलांन हो खटलो उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायाधीशां समोर सादर करचो.मुखेल न्यायाधीश संबंदीत खंडपिठाक दोन सप्तकां भितर निवाडो दिवपाक सांगतले. तरी लेगीत हो आदेश दिलो ना जाल्यार मुखेल न्यायाधीश हे  प्रकरण दुसरे खंडपिठाक दितले अशें खंडपिठान सांगलें. दरेका उच्च न्यायालयाच्या रजिस्ट्रार जनरलान त्या म्हयन्या भितर राखीव निर्णय जाहीर जावंक नाशिल्ल्या प्रकरणांची वळेरी मुखेल न्यायाधीशाक दिवची पडटली. आनी अशे  तीन म्हयने करचे.

Weather – 70

हवामान खात्यान आज राज्यांत पावसाचो orange अलर्ट जारी केला.२८ आनी २९ ऑगस्टक गोंयांत पावसाचो येल्लोव अलर्ट जारी केला.    आज पणजेंत चडांत चड तापमान 28.2 degrees celcius आनी उण्यांत उणें तापमान 24.2 degrees

celcius नोंद जालां. मुरगांवां चडांत चड तापमान 28 degrees सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 24.6 degrees celcius नोंद जालां. फुडले स दीस गोंयांत चडांत चड तापमान 28 ते 29 degrees सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 24 ते 25 degrees सेल्सियस मदी उरपाची शक्यताय आसा.

Ashwin Retirement – 70

भारताचो आदलो फिरकी गोलंदाज रविचंद्रन अश्विनान इंडियन प्रिमियर लीगांतल्यान निवृत्तीची घोशणा केल्या. सोशल मिडियाचेर पोस्टा वरवीं अश्विनान सांगलें की आतां संवसारभरांतल्या लीगांनी खेळपाचो अणभव मेळटलो. अश्विनान आयपीएलांत 14 वर्सांच्या कारकिर्दीत 221 मॅचींनी 187 विकेटी घेवन चवथो सगळ्यांत चड विकेट घेवपी म्हणून आपलें नांव नोंद केलें. ताणें आपल्या कारकिर्दीत जायत्या फ्रेंचाइजिचें प्रतिनिधित्व केलें, तातूंत चेन्नई सुपर किंग्स, रायजिंग पुणे सुपरजायंट, पंजाब किंग्स, दिल्ली कॅपिटल्स आनी राजस्थान रॉयल्स हांचो आस्पाव जाता.

Football – 115

फुटबॉलाची संवसारीक शासन संस्था फिफा आनी आशियाई फुटबॉल संघटणेन अखिल भारतीय फुटबॉल संघटनेक खर शिटकावणी दिल्ल्यान भारतीय फुटबॉलाचेर आंतरराष्ट्रीय बंदी येवपाची भिरांत आसा. भारतीय फुटबॉल संघटणेन 30 ऑक्टोबर मेरेन नवे संविधान आपणावन ताका मान्यताय दिवची पडटली नाजाल्यार निलंबीत करपाचो धोको आसा अशें फुटबॉल नियंत्रीत मंडळांनी सांगलें. ह्या निलंबनाक लागून राष्ट्रीय फुटबॉल पंगड आनी क्लबांक सगळ्या आंतरराष्ट्रीय सर्तींनी खेळपाक बंदी घालतले. ते भायर 2036 वर्सा अहमदाबादांत जावपी ऑलिंपिक खेळां सर्ती खातीर भारतान केल्ल्या महत्वाकांक्षी दावेदारीचेरूय ताका लागून अनिश्चितताय निर्माण जाल्या. अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघाचे अध्यक्ष कल्याण चौबे हांकां बरयल्ल्या पत्रांत फिफान 2017 वर्सा सावन सर्वोच्च न्यायालयांत ही केस प्रलंबीत आसून लेगीत भारतीय फुटबॉल महासंघान आपलें संविधान निमाणें करपाक अपेस आयिल्ल्या खातीर खर हुस्को उक्तायला.